

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय १२ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ जय जय सद्‌गुरू साईनाथा । माथें चरणीं तुमच्या दवरतां । निर्विकार अखंड एकस्वरुपता । कृपा करात ह्या शरणागताचेर ॥१॥ सच्चिदानंदा आनंदकंदा । संवसारवार्ता–[१]सुखनिश्पंदा । अद्वैत बोधान [२]द्वैतछंदा । मंदाच्याही वारिसी ॥२॥ सगले कडेन पूर्ण भरलां । मळबा भशेन विस्तारलां । तेंच तुजें स्वरूप पिंतारलां । अणभवी बरें दैवशाली ॥३॥ साधवांची जावची राखण । धोंग्यांचें जावचें निर्दाळण । म्हणुनूच ईश्वराचें अवतरण । संत हे विलक्षण हाचेर ॥४॥ साधू, धोंगी संतां समान । एक व्हड एक ल्हान । हें मानिना जांचें मन । एकसारकें दोगांकूय जें ॥५॥ ईश्वरा परस व्हड संत । धोंग्यांक आदीं दाखयता वाट । कळवळटा जांचें काळीज । प्रेम मनांत गरिबां विशीं ॥६॥ अगस्ती हे भवसागराचे । सूर्य हे अज्ञान काळखाचे । परमात्मे हांगाच रावपाचे । खरोखर हे तदभिन्न ॥७॥ अशांतलो हो साई म्हजो । भक्तां खातीर अवतरलो । मुर्तीमंत राजा ज्ञानाचो । मोक्ष तेजान व्यापलेलो ॥८॥ जीव जिवावळी विशीं भोव ममता । हेर कडेन सामकी अनित्सा । खिणांत सत्ता खिणांत वैराग्यता । दुस्वासा विरयत एकसारके सगल्याक ॥९॥ जाका ना दुस्मान–इश्टभाव । सारकेच जाका रंक–[३]राव । असो जो साई [४]महानुभाव । प्रभाव ताचो आयकात ॥१०॥ संत आपल्या पुण्यप्रभावान । जमयतात भक्त प्रेमाच्या

---

१. दिवपी. २. अद्वैताचो (जीव आनी ब्रह्म एकूच मानप) बोध करून द्वैताचो (देव आनी जीव वेगळेवेगळे मानप) भेद करपी. ३. गरीब- राजा. ४. महात्मा.

आकर्शणान । पळयनात ते बांय दोंगर देगण । घालतात उडी भक्तां खातीर ॥११॥ म्हणुनूच अज्ञानी जाणिनात । परमार्थ कसो तो करतात । बायल–भुरगीं धन कशें जोडटात । बावड्यांक त्या नासता खबर कांयच ॥१२॥ अशीं अज्ञानी भोळीं बावडीं । देवाक अपुरबाय भोव तांची । देवाक [1]विमूख देवनिराळीं । नडटा तांकां अभिमान ॥१३॥ अज्ञान्यांची येतली दया । संतांनी एकदां लायतकूच माया । विस्वास व्हड [2]दाखयतां । अहंकार ज्ञानाचो निर्फळ ॥१४॥ पंडीत समजुपी मूर्ख आसतात । पोक्या अभिमानान बेठेच फुगतात । भक्तीपंथाची निंदा करतात । नाका तांची संगत ॥१५॥ नाका रंग–जातीभेदाचें बंड । नाका वर्ण अभिमानाचें पाखंड । जावं नाकात [3]वर्णाश्रमधर्मलंड । नास्तीक पंडीत जावचें न्हय ॥१६॥ वेदवेदांगांतले [4]पारंगत । ज्ञानाच्या अहंकारान उन्मत्त । भक्तीमार्गाच्या आड येतात । लागना तांची धडगत ॥१७॥ अज्ञानी विस्वासा–सारकें । तरतलो तो भवभयाचें वजें । मात ह्या शास्त्रपंडितांचें कुवाडें । केन्नाच सुटना कोणाक ॥१८॥ संतांचेर दवरतकूच विस्वास । अज्ञान्यांचें जाता अज्ञान पयस । ज्ञान अभिमान्यांक ना दुबाव कश्ट । जल्मतलो सद्भाव तांचे भितर ॥१९॥ आसूं, एकदां सुदैवान [5]परिपाट । अशी घडली गजाल विचित्र । असली एका कर्मठाच्या नशिबांत । लाभ दिणी भेट श्रीसाईंची ॥२०॥ ताचो संकल्प आसलो वेगळो । योगायोग आसलो आगळो । तातूंतल्यानूच शिरडीचो लाभ घडलो । पडलो नदरेक गुरू ताचो ॥२१॥ तें भोव म्होंवाळ कथानक । जें गुरूम्हात्म्य [6]प्रकाशक । आयकात तें तुमी मुजरत । प्रेम दाखोवपी गुरूभक्तांक ॥२२॥ नासकाचे [7]कर्मठ सोवळे । अग्नीहोत्री आडनांव 'मुळे' । पूर्वपुण्यायेच्या बळें । आयले एकदां शिरडीक ॥२३॥ गांठीक नासतना हें पुण्य । शिरडीक उरना एक खीण । कोणाचो कितलोय निश्चेव प्रबळ । चलना चळवळ बाबां मुखार ॥२४॥ कोणूय

१. फाट करून. २. दाखयतकूच. ३. ठक. ४. तज्ञ. ५. रीत. ६. उकतें करून दाखोवपी. ७. धर्मनिश्ट.

म्हणीत हांव वतलों । मनाक येत तितलो रावतलों । हें ना तो करपाक शकतलो । दुसऱ्याच्या ताब्यांत तो सर्वस्वी ॥२५॥ अशे मी मी म्हणपी । थकले कितले निश्चेव करपी । अहंकार सगल्यांचो घालोवपी । श्रीसाई एक देवता स्वतंत्र ॥२६॥ तुमचो वेळ आयलेवीण । बाबांक जायना तुमचें स्मरण । कानांत पडना तांचें गूणवर्णन । दर्शन कशें तें घडटलें ॥२७॥ वच्चें श्रीसाईंच्या दर्शनाक । इत्सा आसली अनेकांक । योगूच आयलोना अखेरेक । साई–निर्वाणा मेरेन ॥२८॥ फुडें केन्ना तरी वचुया म्हणटना । आडमेळ्यांनी फाट सोडलिना । जायते उरले वाटेरूच येतना । बाबाय जाले विलीन अनंतात ॥२९॥ आयज फाल्यां करतना । भेट केन्ना घडलीच ना । पश्चतापा बगर कांय मेळ्ळेंना । फटवले दर्शनाक पसून ॥३०॥ अशी जांची उरल्या भूक । आयकल्यार ह्यो कथा आदरपूर्वक । दुदाची तान भागयतलें ताक । विस्वास पूर्ण दवरल्यार ॥३१॥ बरें जे कोण भाग्यान पावतात । दर्शन स्पर्शान तृप्त जातात । ते कितें थंय मर्जे प्रमाण रावतात । बाबांनी जाय दवरपाक ॥३२॥ स्वता कोणूच शकना वचपाक । मनांत आसुनूय जमना रावपाक । मर्जे प्रमाण थंयच्यान येवपाक । आज्ञे बगर श्रीसाईंचे ॥३३॥ एकदां काका महाजन । शिरडीक गेले मुंबयच्यान । सप्तकभर थंय रावून । परत येवचें ह्या विचारान ॥३४॥ चावडी सोबीत सजोवन । बाबां मुखार पाळणें बांदून । भक्त नाचताले खोसयेन । मनयताले सुवाळो कृष्णजल्माचो ॥३५॥ दबाजो तो अश्टमीचो । दोळे भरून पळोवचो । विचार करून असो मनाचो । काका पावले शिरडीक ॥३६॥ पयल्याच दिसा घेतना दर्शन । विचारलें तांकां साईन । ‘‘वतले केन्ना घरा परतून’’ । अजापले मनांत काका तेन्ना ॥३७॥ कित्याक हो प्रस्न पयलेच भेटेंत । काका जाले अजापभरीत । रावचें आठ दीस शिरडींत । आसलें मनांत तांच्या तेन्ना ॥३८॥ बाबानूच जेन्ना स्वता विचारलें । काकांक उत्तर दिवचेंच पडलें । दिसलें तेंय बाबाच सुचयताले । देखुनूच दिलें योग्य तें ॥३९॥

‘‘बाबा दितले आज्ञा जेन्ना । वतलों हांव घरा तेन्ना’’ । काकान अशें सांगलें तेन्ना । ‘‘फाल्यांच वच’’ म्हूण सांगलें ॥४०॥ आज्ञा ती मानून प्रमाण । बाबांक करून अभिवंदन । आसुनूय अश्टमीसारको सण । परतले काका त्याच दिसा ॥४१॥ मुखार जेन्ना ते गांवांत पावले । पेडयेचेर वचून पळयलें । धनी वाट पळयतूच आसले । काका केन्ना येतले ताची ॥४२॥ कारकून अचकीत पडलो दुयेंत । धनयाक काकांची भोव गरज । काकांनी बेगोबेग येवचें परत । म्हणून पत्र धाडिल्लें शिरडीक ॥४३॥ काका वतकूच थंयच्यान । सोद घेतलो पोस्टमनान । मागीर तें पत्र धाडलें परतून । मेळ्ळें घरांत काकांक ॥४४॥ हाचे उरफाटें आनीक अशीच । खबर आयकात ल्हानशीच । भक्तांक कळना बरें वायट कांयच । साईंक तें स्पश्ट कळटालें ॥४५॥ एकदां नासकाचे नामनेचे वकील । भक्त एक बाबांचे मोगाळ । नांव जांचें भाऊसाहेब धुमाळ । आयिल्ले फकत घेवपाक दर्शन ॥४६॥ उब्या उब्यांनीच घेवचें दर्शन । करून चरणांक नमन । घेवन उदी आशिर्वचन । वच्चें परतून ह्या विचारान ॥४७॥ वतना परत वाटेर निफाडाक । देंवपाक जाय आसलें धुमाळांक । थंय एके सुनावणेक । वचपाची ताकतीक आसली तांकां ॥४८॥ हो जरी तांचो बेत । बाबा जाणटाले बरें वायट । परत वचपाक आज्ञा मागीत । दिलिना बाबांनी कशीच तांकां ॥४९॥ सप्तकभर दवरून घेतलो । आज्ञा दिवंक न्हयकार दिलो । सुनावणेचो वेळ गेलो । अश्योच चुकल्यो तारखो तीन ॥५०॥ फुडेंय कांय दीस आनीक । दवरून घेतलो धुमाळाक । हेवटेन सुनावणेचे तारखेक । न्यायाधीश उचांबळीत ॥५१॥ जावंक नासलें केन्नाच जल्मांत । अशे तरेन दुखपाक लागचें पोटांत । सुनावणी आपसूक मुखार धुकलीत । लागचो काळ सार्थकीं ॥५२॥ धुमाळांक साई सांगात मेळून । पक्षकाराचें चिंता निरसन । आयलें कश्टां बगर घडून । दवरिल्ल्यान विस्वास साईंचेर ॥५३॥ मागीर योग्य वेळार । धुमाळाक आज्ञा दिली मुखार । सगलीं कार्यां सूखकर । लिला अगाध

साईंची ॥५४॥ सुनावणी चल्ली म्हयने चार । न्यायाधिशूय आयले चौग बदलेर । पूण येस आयलें अखेर । सुटलो आरोपी निर्दोश ॥५५॥ एकदां एक भक्तप्रवर । नानासाहेब निमोणकर । कसो ताचे घरकान्नीचो कैवार । घेतलो आयकात बाबांनी ॥५६॥ निमोण गांवचे जमीनदार । न्यायाधिशाचो कारबार । दितालें जांचे कडेन सरकार । पेझाद ते व्हड ॥५७॥ माधवरावांचो चुलतो ज्येश्ट । जाण्टो आनी पुज्य श्रेश्ठ । घरकान्न जायाय भोव एकनिश्ट । साईच इश्ट दैवत जांचें ॥५८॥ सोडून जमीनदारीचो गांव । आयलीं रावपाक शिरडींत दोगांय । दवरून साईंचेर पूर्ण भाव । वागतालीं धादोसकायेन तीं ॥५९॥ सदांच फांतोडेर उठून । न्हावन धुवन नितळ जावन । करपाक कांकड आरती पुजन । येतालीं चावडेर दोगांय ॥६०॥ फुडें आपलीं स्तोत्रां म्हणीत । नाना बाबां वांगडाच रावत । जाय मेरेन सूर्य अस्त । करताले सेवा बाबांची ॥६१॥ बाबांक व्हाळाचेर व्हरताले । मशिदींत हाडून पावयताले । मेळत ती सेवा करताले । भोव खुशाल मनान ॥६२॥ घरकान्नीनूय आपले परीन । करची मना काळजांतल्यान । सेवा बाबांची नित्य नेमान । दिसूयभर थंयच रावून ॥६३॥ मात न्हावप धुवप करपाक । तशेंच जेवणखाण रांदपाक । आनी राती कडेन न्हिदपाक । वतालीं आपल्या राबित्यार ॥६४॥ बाकीचो पुराय वेळ । दनपार तिनपार सांज सकाळ । घालयतालें हें दांपत्य प्रेमळ । रावून सांगातान बाबांच्या ॥६५॥ सेवा तांची सांगूंक गेल्यार । जातलो ग्रंथाचो भोव विस्तार । म्हणून हो भाग सांगून थोडे भितर । घेतां आटापार विशय हो ॥६६॥ पूत पडिल्लो दुयेंत बेलापूराक । थंय वच्चें पडलें घरकान्नीक । विचारून तिणें घरकाराक । केली तयारी वचपाची ॥६७॥ सदांचे वरी मुखार । बाबांचोय घेतलो विचार । मेळटकूच बाबांचो हयकार । सांगलें तशें घरकाराक ॥६८॥ आसूं, अशे तरेन निश्चीत जालें । बेलापूराक वचपाचें थारलें । मुखार नानांचें सांगणें पडलें । दुसऱ्याच दिसा परत यो म्हणून ॥६९॥ कारणूय तशेंच

आसलें । म्हणून नानान तिका सांगलें । चल पूण फाल्यांच यो म्हणलें । दोट्टी मन जालें घरकान्नीचें ।।७०।। दुसऱ्या दिसा पाडव्याची उमास । तोय थंयच काडचो दीस । आसलें तिच्या मनांत खास । पूण कळ्ळेंना तें नानांक ।।७१।। ते भायर उमाशेचो दीस । योग्य नासलो करपाक प्रवास । कुवाडें हें कशें सोडोवप । पडली हुसक्यांत घरकान्न ।।७२।। वचना जाल्यार बेलापूराक । समाधान नासलें तिच्या मनाक । दुखोवपाकूय शकनासली घरकाराक । तरीय आज्ञा मोडप कशी ।।७३।। आसूं, मागीर केली तयारी । बेलापूराक वचपाची । व्हाळार वताली स्वारी बाबांची । नमस्कार केलो तिणें तांकां ।।७४।। कोणूय वतना दुसऱ्या गांवांत । पावचें म्हूण आडखळी विरयत । जशे देवा कडेन मागतात । तीच प्रथा शिरडींतूय ।।७५।। मात थंयचो देव साई । वचपाची कितलीय जरी घाई । माथें दवरुनूच तांचे पांयीं । वताले ते मुखार ।।७६।। अशे थंयचे परंपरे प्रमाण । साठ्यांच्या घरा मुखार । बाबा उबे आसतना खीणभर । अस्तुरेन केलें वंदन चरणांक ।।७७।। नानासाहेब निमोणकर । हांचे सयत ल्हान व्हड हेर । सगल्यांनी येवन थंयसर । घेतलें दर्शन बाबांचें ।।७८।। अशा समेस्त भक्तां मुखार । चड करून नानां हुजीर । बाबांनी अस्तुरेक जें सांगलें थंयसर । पळयात वेळाचें भान बाबांचें ।।७९।। माथें चरणांचेर दवरून । आज्ञा जेन्ना मागली तिणेंन । सांगलें तिका बाबान । ''चल वचून यो सवकासायेन ।।८०।। चार दीस सुसेगाद रावून । पुताची योग्य सेवा करून । सगल्यांची खबरबात घेवन । यो तूं परत शिरडीक'' ।।८१।। अशें बाबांचें आयकून वचन । खुशाल जालें अस्तुरेचें मन । निमोणकरांकूय पटली खूण । जालीं समाधानी दोगांय ।।८२।। सारांश आमी करचे बेत । आमकां खबर ना सुरवात शेवट । बरें वायट सांबाळटात संत । जाणटात ते सगलें ।।८३।। भूत भविश्य वर्तमान । हातचो मळ कशें तांकां गिन्यान । केल्ल्यान तांचे आज्ञेचें पालन । जातात भक्त सूखसंपन्न ।।८४।। आसूं, आतां आदलें

आख्यान । चलोवया मुखेल कथा निरुपण । कशे तरेन मुळ्यांचेर कृपा करून । दिलें दर्शन गुरूचें ॥८५॥ श्रीमंत बापुसाहेब बुट्टींगेर वचून । निमतान तांची भेट घेवन । रोखड्चारोखडें वच्चें परतून । आसलें मनांत मुळ्यांच्या ॥८६॥ पूण असो जरी तांचो हेत । बाबांच्या आसलें दुसरेंच मनांत । तो चमत्कार तो संकेत । आयकात शांत चित्तान ॥८७॥ श्रीमंतांची भेट घडली । मंडळी मशिदी वटेन चलताली । मुळ्यांच्याय मनांत इत्सा जाली । चलपाक लागले भक्तां वांगडा ॥८८॥ मुळेचें स शास्त्रांचें अध्ययन । ज्योतीशविद्येंतले व्हडले तज्ञ । हात पळोवपांतूय तितलेच प्रवीण । रमले दर्शन घेतकूच ॥८९॥ दुदफेणे बर्फी मिठाय नाल्ल । तरातरांची फळफळावळ । व्हडा प्रमाणान ओंपताले सरळ । भक्त प्रेमान बाबांक ॥९०॥ ते भायर थंय येत भाजयेकान्न । जांब केळीं ऊस घेवन । बाबा पदरचे पयशे दिवन । घेताले विकत केन्नाकेन्ना ॥९१॥ स्वताचे पयशे मोडटाले । आंब्यांचे पांटले घेताले । केळींय हाडपाक सांगताले । दिताले भक्तांक मेकळेपणान ॥९२॥ आंबो एकेक हातांत घेवन । दोनूय तळव्यांनी मदीं धरून । चोळून चोळून मोव करून । दिताले खावंक भक्तांक ॥९३॥ आंबो तो ओंठांक लागतकूच । वच्चो एकदांचो रोस पोटांत । जसो भरून दिवचो रोस पेल्यांत । साल कोय उडोवची भायर ॥९४॥ आनीक वेगळो प्रकार केळ्यांचो । भक्तांक भितरलो गाबो दिवचो । स्वता आपूण साली खावच्यो । करणी आगळी कितली ही ॥९५॥ फळां हीं सगलीं धरून हातांत । बाबा एक एक भक्तांक वांटीत । केन्ना तरी मारल्यार मनाक । स्वताय चाखीत एखादें ॥९६॥ परंपरा ही उरची चलत । भक्त लोकां खातीर फकत । म्हणून केळीं घेवन विकत । बाबा वांटीत सगल्यांक ॥९७॥ शास्त्रीबुवा भोव अजापले । पळोवन चरण बाबांचे । ध्वज वज्र अंकूश रेखांचें । निरिक्षण करचेंशें दिसलें तांकां ॥९८॥ भक्त काकासाहेब दीक्षित । आसले तेन्ना लागींच । उखलून चार केळीं दीत । हातांत तेन्ना

बाबांच्या ॥९९॥ कोणें बाबांक खूब सांगलें । बाबा हे क्षेत्रा वयले शास्त्री मुळे । पावल्यात चरणां कडेन पुण्याच्या बळें । प्रसाद-फळां दियात तांकां ॥१००॥ कोणूय सांगात वा सांगूं नाकात । आयले बगर बाबांच्या मनांत । कोणाकूच ते केन्ना कांयच ना दीत । करतले तेन्ना कितें ते ॥१०१॥ केळीं न्हय, मुळे मागतात हात । तेच खातीर ते पसरायतात हात । बाबा तांचे कडेन दिनासतना लक्ष । वांट्टाले प्रसाद सगल्यांक ॥१०२॥ मुळे बाबांक विनंती करीत । फळां नाकात दियात हात । पळोवंक जाय भविश्य म्हणीत । दिलोना हात बाबांनी ताका ॥१०३॥ तरीय मुळे मुखार सरले । हात बाबांचो ओडूंक लागले । बाबांनी तांकां किकोंत केले । खबरूच नाशिल्ले वरी कितेंच ॥१०४॥ पसरायिल्ल्या मुळ्याच्या हातांत । बाबा चार केळीं दवरीत । बसपाक सांगलें पूण दिलोना हात । मुळ्याक कसोच करून ॥१०५॥ ईश्वरा खातीर झरयली जीण । ताका भविश्याची गरज कोण । अवाप्तसकळकाम साईराय पूर्ण । मायबाप जो सद्भक्तांचो ॥१०६॥ पळोवन बाबांची इत्साहीन स्थिती । भविश्या विशीं उदासीन वृत्ती । शास्त्रीबुवान घेतलो हात फाटीं । दिलो नाद सोडून ॥१०७॥ कांय खीण बसले शांत । मंडळी वांगडा गेले वाड्यांत । न्हावन धुवन सोवळें न्हेसत । गेले करपाक [1]अग्नीहोत्र ॥१०८॥ हेवटेन नित्य कार्या खातीर । बाबा वचपाक लागले व्हाळार । सांगलें [2]गेरू घेयात बरोबर । भगवें वस्त्र पांगरात ॥१०९॥ सगले भोव अजापले । बाबा गेरूचें कितें करतले । सगलेच विचार करपाक लागले । याद कित्याक जाली ते मातयेची ॥११०॥ बाबांच्या त्या अस्पश्ट उतरांचो । कोणें कसो अर्थ काडचो । पूण आदरान जर कानांत सांठयलो । कळटलो पूर्ण तुमकांय ॥१११॥ संतांचे जे आसतात बोल । नासतात ते केन्नाच फोल । अर्थभरीत सदा सखोल । मोलावणी तांची अशक्य ॥११२॥

१. होम घालपाचें काम. २. एके तरेची तांबडी माती.

आदीं विचार मागीर उच्चार । हो तांचो सदांचो वेव्हार । उच्चारा फाटल्यान आचार । संत साचार आदरतात ।।११३।। सर्वमान्य ह्या सिद्धांता प्रमाण । केन्नाच थारचें ना फट संतवचन । तपासलें जाल्यार धरून ध्यान । वेळारूच जाणवतलें तुमकांय ।।११४।। आसूं, हेवटेन बाबा परतले । शेनाय शींग वाजपाक लागलें । बापूसाहेब जोग तत्काळ उठले । वेळारूच सुचयलें मुळ्यांक ।।११५।। आरतींचो जालो वेळ । येतात व्हय मशिदी कडेन । शास्त्रीबुवांच्या सोवळेपणाक । दिसलो प्रसंग अवघड तो ।।११६।। उलयले मागीर दिवंक प्रत्युत्तर । घेवया दर्शन सांजवेळार । तशे जोग लागले त्या समयार । करपाक तयारी आरतींची ।।११७।। हेवटेन बाबा येवन परत । बशिल्ले आसनार उलयत । ते मेरेन सगले पुजा सोंपयत । आरती थाटली स्थानाचेर ।।११८।। इतल्यान हाडात म्हणलें बाबान । दक्षणा त्या नव्या ब्राह्मणा कडल्यान । बापूसाहेब बुट्टीच तेन्ना उठून । गेले दक्षणा मागपाक ।।११९।। तेन्नाच मुळे न्हावन धुवन । सोवळें वस्त्र न्हेसून । बशिल्ले घालून आसन । मन स्वस्थ करून ।।१२०।। निरोप आयकून त्या खिणाक । अजाप दिसलें मुळ्यांच्या मनाक । दक्षणा दिवची कित्याक । हांव तर निर्मळ अग्नीहोत्री ।।१२१।। आसत बाबा व्हड संत । पूण हांव कितें तांचो [1]अंकीत । म्हजे कडेन कित्याक दक्षणा मागतात । मन तांचें दुबावलें ।।१२२।। साईंसारके दक्षणा मागतात । कोट्याधीश रकाद हाडटात । मुळे जरी मनांत दुबावत । दक्षणा घेत बरोबर ।।१२३।। आनीक दुबाव तांच्या मनांत । काम घेतलां जें हातांत । सोडून कसो वचूं मशिदींत । येना म्हणपूय जमना जालें ।।१२४।। दुबावी आत्म्याक नासता निश्चीती । सदांच डळमळीत ताची स्थिती । नासता ताका कसलीच गती । हुमकळटी अवस्था ताची ती ।।१२५।। तरीय मागीर केलो विचार । केलो वचपाचो निर्धार । गेले सभामाटवा भितर । वचून

---

१. गुलाम.

रावले उबे पयस ॥१२६॥ आपूण सोवळो मशीद अपवित्र । कसो वचूं भितर मशिदींत । म्हणून पयसुल्ल्यानूच जोडून हात । केलो नमस्कार बाबांक ॥१२७॥ इतल्यान असो चमत्कार । जालो तांचे नदरे मुखार । बाबा अदृश्य गादयेचेर । घोलप गुरूवर दिसले तांकां ॥१२८॥ हेरांक सदांचे साईसमर्थ । मुळ्यांक मात दिसताले घोलपनाथ । ते जरी आदींच [1]ब्रह्मीभूत । मुळे अजापीत मनांत ॥१२९॥ गुरू जरी प्रत्यक्षांत समाधिस्त । तरीय दिसताले नदरे मुखार साक्षात । तातूंत मुळे भोव अजापीत । तितलेच मनांत दुबावितूय ॥१३०॥ सपन म्हणपाक न्हय न्हिदिल्लों । जागेपणींच गुरू कसो दिसलो । मुळेंच्या मनांत दुबाव भरलो । जाले स्तब्ध खीणभर ॥१३१॥ आपणाकूच काडलो चिमटो । म्हणलें न्हय हो प्रकार खोटो । कित्याक आयलो हो दुबाव बेठो । सगल्यां सारकों हांव हांगा ॥१३२॥ मुळे मूळचे घोलपभक्त । बाबां विशीं आसले दुबावीत । मात मुखार जाले भक्त । सोडून दुबाव मनांतलो ॥१३३॥ स्वता वर्णाग्रज ब्राह्मण । वेदवेदांगशास्त्रसंपन्न । मशिदींत मेळून घोलप दर्शन । भोव अजापीत जाले ते ॥१३४॥ मागीर वयर गेले धांवून । आपल्या गुरूचे चरण वंदून । उबे रावले हात जोडून । सुटनासलें उतर तोंडांतल्यान ॥१३५॥ भगवीं वस्त्रां न्हेशिल्ल्या भेसान । घोलप स्वाम्यांक दोळ्यांनी पळोवन । पांयांचेर तांच्या घेतलें घालून । धांवत वचून मुळ्यांनी ॥१३६॥ तुटलो उच्च वर्णाचो अभिमान । पडलें दोळ्यांत झणझणीत [2]अंजन । मेळटकूच आपलो गुरू [3]निरंजन । कृतार्थ पूर्ण जाले ते ॥१३७॥ सोंपली मुळ्यांची दुबाववृत्ती । जडली बाबांचेर प्रिती । अर्दी उगडून दोळ्यांची पाती । एकसारके पळयताले साई चरणांक ॥१३८॥ पुण्य फळळें अनंत जल्मांचें । नदरेक पडले चरण साईंचे । घडलें न्हाण चरणतिर्थाचें । पुण्यवान मानलो तांणी स्वताक ॥१३९॥ लोक सगले अजापले । अचकीत हें

---

१. ब्रह्मा कडेन एकरूप जाल्ले. २. काजळ. ३. परब्रह्म.

कितें घडलें । फुलां जे मोखून मारताले । तेच कशे चरणांचेर बाबांच्या ॥१४०॥ हेर म्हणटाले आरत बाबांची । मुळे गायताले स्तवनां घोलपांचीं । व्हड आवाजान आसत तांची । रंगांत रंगून सप्रेम ॥१४१॥ सोवळ्याचो पडलो विसर । सुटलो आफडभश्टकार । घालून घेतलें पांयांचेर । दोळे धांपून खोसयेन ॥१४२॥ उठून उगडले जेन्ना दोळे । घोलप स्वामी अदृश्य जाल्ले । थंय साई समर्थ दिसले । दक्षणा मागताले तांचे कडेन ॥१४३॥ पळोवन बाबांची आनंदमुर्ती । आनी तांची ती अकल्पीत शक्ती । तटस्थ जाल्यो चित्तवृत्ती । विसरले मुळे भान पूर्ण ॥१४४॥ अशी ही म्हाराजांची व्हडवीक । पळयतकूच न्हिवली तानभूक । घेतलें गुरूचें दर्शनसूख । परम हर्श मुळ्यांक ॥१४५॥ जालें समाधान मनाक । घालें लोटांगण बाबांक । उमाळो येवन खोसयेच्या दुकांक । दवरलें माथें चरणांचेर ॥१४६॥ दक्षणा कितें आसली ती दिली । परत तकली चरणांचेर दवरली । दोळ्यांत खोसयेचीं दुकां देवलीं । फुल्लो कांटो आंगार तांच्या ॥१४७॥ गळो दाटून आयलो । अश्टभाव मनांत दाटलो । म्हणलें दुबाव मनाचो पयसावलो । घडलें दर्शन गुरूचेंय ॥१४८॥ पळोवन बाबांची लिला अलोकीक । मुळ्यां सयत अजापले लोक । कळ्ळो गेरूचो अर्थ समेस्तांक । अणभव आयलो तेन्ना ॥१४९॥ हेच म्हाराज, मुळेय तेच । अजाप कसलें वेळार ह्याच । कळचीना म्हाराजांची युक्ती कोणाकूच । लिलाय तांची अगाध ॥१५०॥ अशेच एक मामलेदार । धरून साईदर्शनाचो आदर । सांगाताक एक इश्ट डॉक्टर । आयलो घेवन शिरडीक ॥१५१॥ डॉक्टर जातीचो ब्राह्मण । रामाचो उपासक आचारवान । देवपुजा शास्त्रोक्त पद्दतीन । करतालो नेमान सदांच ॥१५२॥ साईबाबा मुसलमान । आपलें आराध्य [१]जानकीजिवन । आदींच इश्टाक दवरलें सांगून । करचों ना आपूण नमस्कार ॥१५३॥ मुसलमानाक करपाक नमन । राजी जायना

१. श्रीराम.

आपलें मन । म्हणूनच शिरडी येवंक सुरवातीक सावन । दुबावतालें मन म्हजें ॥१५४॥ आगरो पांयां पडपाचो । कोणूच ना तुका करचो । दुबाव काडून उडय मनाचो । राव हुसक्या मेकळो मनांत ॥१५५॥ बाबाय केन्ना सांगचे नात । ''कर नमस्कार'' म्हणचे नात । अशें आस्वासन मामलेदार दीत । जालो डॉक्टर तयार येवपाक ॥१५६॥ असो ठाम निर्धार करून । मानून आपल्या इश्टाचें वचन । दुबाव सगलो पयस सारून । सरलो भायर दर्शनाक ॥१५७॥ पूण शिरडीक जें अजाप घडलें । दर्शना खातीर मशिदींत गेले । पयलीं तांणीच लोटांगण घालें । अजापीत जालो इश्ट सामको ॥१५८॥ तेन्ना ताणें विचारलें । विसरलो कसो तूं जें थारायिल्लें । म्हजे आदींच लोटांगण घालें । पांयांचेर कशें मुसलमानाच्या ॥१५९॥ मागीर डॉक्टरान नवल सांगलें । प्रत्यक्ष रामरूप आपणें पळयलें । धांवत वचून घालून घेतलें । चरणांचेर श्रीसाईंच्या ॥१६०॥ तेच पळय हे आसनार बसल्यात । तेच सगल्यां वांगडा उलयतात । म्हणटां म्हणटां खीणभरांत । लागतालें दिसपाक साईरूप ॥१६१॥ तातूंत डॉक्टर जाले विस्मीत । म्हणचें हाका सपन काय सत्य । म्हणलें हे कशे मुसलमान आसत । हे तर योगसंपन्न अवतारी ॥१६२॥ चोखामेळा जातीचे म्हार । रोहिदास आसले चामार । कित्याक प्रीय खाटकाचे जातीचो विचार । ते तर हिंसा करतलेच ॥१६३॥ फकत जगाच्या उपकाराक । जल्म मरणाचे फेरे चुकोवपाक । त्यागून निर्गूण निराकाराक । आयले आकाराक हे संत जगांत ॥१६४॥ हो साक्षात कल्पवृक्ष । खिणांत साई खिणांत राम ही साक्ष । घालयलो म्हजो अहंकार प्रत्यक्ष । दंडप्रमाण करून ॥१६५॥ दुसऱ्या दिसा घेतलें एकवत । कृपा करिनात ते मेरेन साईनाथ । पावल दवरप ना मशिदींत । बसले शिरडींत उपासाक ॥१६६॥ अशेच गेले तीन दीस । फुडें उजवाडलो चवथो दीस । घडली कसली खबर खास । आयकात दिवन लक्ष ती ॥१६७॥ राबितो जाचो खानदेशांत । असो ताचो एक इश्ट । पावलो थंय अचकीत । दर्शना

पासत श्रीसाईंच्या ॥१६८॥ णव वर्सांनी जाली भेट । खोसयेचे उमाळे उपाट । डॉक्टरूय गेलो फाटोफाट । ताचे वांगडा मशिदींत ॥१६९॥ वचनाच फुडें घालो नमस्कार । बाबांनी विचारलें कितें डॉक्टर । आयला कित्याक दी उत्तर । आयिल्लो व्हय कोण आपोवपाक ॥१७०॥ वर्माक लागपी तो प्रस्न आयकून । डॉक्टर गेलो विरगळून । केल्ल्या निश्चयाचें जावन स्मरण । जालो खंती मनांत ॥१७१॥ मात त्या दिसा फांतोडेर । केली कृपा तांचेर । गोडी परमानंदस्थितीची अपार । चाखयली तांकां न्हिदांतूच ॥१७२॥ फुडें डॉक्टर गांवघरा गेले । तरीय ती गोडी अणभवपाक लागले । अशे पूर्ण पंदरा दीस गेले । वाडली भक्ती साई चरणांची ॥१७३॥ अशे साईंचे अणभव । सांगूं येतले एक एक अभिनव । ग्रंथविस्तार जातलो भोव । म्हणून आवरतां हांगाच ॥१७४॥ मुळ्यांची ती आयकून कथा । विस्मीत श्रोत्यांच्या चित्ता । पूण हांगाची तात्पर्य अर्थता । तशीच बोधकता घेयात समजून ॥१७५॥ जो जो जाचो गुरू आसचो । ताचेरूच दृढ विस्वास दवरचो । हेर खंयच तो नासचो । बसचो मनांत गुपीत अर्थ हो ॥१७६॥ हाचे परस हेर हेत । दिसना हे बाबांचे लिलेंत । कोणूय केदोय विचारवंत । आसलो तरीय अर्थ होच ॥१७७॥ कोणाची कीर्त कितलीय आसूं । आपल्या गुरूची इल्ली पसून नासूं । मात स्वगुरूचेरूच विस्वास बसूं । होच उपदेश हाचे फाटलो ॥१७८॥ पोथी पुराणांत सोदपाक गेल्यार । होच उपदेश सांगला भितर । अशी खूणगांठ पटले बगर । निश्ठा बसून बसना ॥१७९॥ नासून आत्मनिश्चय वरिश्ठ । समजतात स्वताक आत्मनिश्ठ । तांच्या जल्माचे सगले कश्ट । दिसता स्पश्ट जाग्याजाग्याचेर ॥१८०॥ ''इदं च नास्ति परं च ना'' । जीणभर सदांच [१]विवंचना । खीणभर थिराय मनाक मेळना । मारतात बडायो तोंडाच्यो ॥१८१॥ आसूं, फुडल्या अध्यायाची गोडसाण । मेळटली हाचे परसूय

१. हुसको.

चड जावन । फकत एका साई दर्शनान । भोगतले खुशालकाय उपाट ॥१८२॥ भक्त भिमाजी पाटील असो । [1]दिसांजोर ताचो घालयलो कसो । भक्त चांदोरकरांचो भरवंसो । मेळयलो एकाच दृश्टांतान ॥१८३॥ असो हो फकत दर्शनप्रताप । इहलोक संबंदांचें लावन माप । आमुष्मिकूय दिता [2]उमाप । दर्शनान निश्पाप करता जो ॥१८४॥ पळयताले जेन्ना योग्याचे नदरेन । नास्तिकांचींय वतालीं पापां धुवन । थंय आस्तिकांचें कितें बसल्यात घेवन । पाप निर्दाळण सहजूच ॥१८५॥ तत्वांत जाची बुद्दी स्थीर । जालो प्रत्यक्ष जाका साक्षात्कार । जो आयलो ताचे नदरे मुखार । पापमेकळो जालो तो ॥१८६॥ अशी बाबांची कळा अकळ । बाबा तुमचे विशीं प्रेमळ । म्हणुनूच जाणटे नेणटे सकळ । जावन निर्मळ आयकात ॥१८७॥ जंय भक्तीप्रेमाचो [3]जिव्हाळो । जंय जिवाक बाबांचो लळो । थंयच आसता खरो कळवळो । आयकुपाचो सुवाळो थंयसरूच ॥१८८॥ हेमाड नमन करता साईचरणां । हिऱ्याचो पांजरो जे अनन्य शरणां । थाव तांचो कोणाक लागना । शक्त जे घालोवपी भवभंय ॥१८९॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । श्रीसंतघोलप-रामदर्शन नांवाचो हो बारावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

---

१. टिबी. २. भरपूर. ३. आपलेंपण.